# मुखेल वेंचणूक अधिकारी कार्यालया वतीन दिव्यांग मूल्यांकन शिबीरांचे आयोजन

ता. 19 ऑगस्ट 2021

मुखेल वेंचणूक अधिकाऱ्याच्या कार्यालयान 16 ऑगस्ट 2021 दिसा आझिलो हॉस्पिटल, म्हापसा हांगा आनी 17 ऑगस्ट 2021 दिसा हॉस्पिसिओ हॉस्पिटल, मडगांव हांगा दिव्यांगांचे मूल्यांकन करून दिव्यांग प्रमाणपत्र जारी करपा खातीर वैजकीय शिबीरांचे आयोजन केल्ले.

शिबीरांत दिव्यांगांक प्रमाणपत्र जारी करपा खातीर आझिलो आनी हॉस्पिसिओतल्या हाडांच्या, दोळ्यांच्या, कान,नाक आनी ताळो आनी ऑक्युपेशनल थेरापी दोतोरांनी दिव्यांगांचे मूल्यांकन केले.

आझिलो हॉस्पिटलांत 75 दिव्यांगांचे मूल्यांकन केले, जातूंत तीन मुकबधीर, 31 शारीरिक दिव्यांग आनी 6 दृश्टीहिनांचो आसपाव आशिल्लो जाल्यार हॉस्पिसिओ हॉस्पिटलांत 89 दिव्यांगांचे मूल्यांकन केले, जातूंत 7 मुकबधीर, 35 शारीरिक दिव्यांग आनी 10 दृश्टीहिनांचो आसपाव आशिल्लो.

सगळ्यां दिव्यांगांक 40 टक्के आनी अदीक दिव्यांगाचे प्रमाणपत्र भेटयले. दिव्यांग मतदारांक टपाल मतपत्रिकेवरवीं मतदान करपाक मेळटले, तशेंच सरकारावतीन दिव्यांगांखातीर अंमलबजावणी करपात येवपी विंगड विंगड येवजणांचो लाव घेवपाक फायदो जातलो.

म्हा /सप/ ऑप / विगां/ 2021/706

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji